## प्रादेशिक खबरो

## 25.06.2025 @ 7.25 am

**संविधान 140**

**आज संविधान हत्या दिस पाळतात. २५ जून १९७५ वर्सा भारतीय संविधान पायामुळान मस्तीलले तेन्ना किते घडले याची याद करून दिवपी हो दिस. भारतीय इतिहासातलो सगळ्यात काळ्या पावंड्यार आणीबाणीच्या अतिरेकांन पीडित जाल्या प्रत्येक व्यक्तीक श्रद्धांजली ओपपाचो हो दिस . १९७५ च्या आणीबाणीच्या अमानवी वेदना सहन करपी सगळ्याच्या प्रचंड योगदानाचे स्मरण करपाक हो दिस पाळतात आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या खबरे प्रमाण फाटल्या वर्सा आणीबाणीच्या काळात सत्तेच्या गैरवापराक बळी पडील्या आणि त्या आड लडपी सगळ्यांक श्रद्धांजली ओपपाक आणि फुडारात कसल्याच तरेन सत्तेच्या गैरवापराक तेंको न दिवपाची प्रतिज्ञा घेवपाक सरकारान २५ जून संविधान हत्या दिस म्हणून घोषित केल्लो . २५ जून १९७५ वर्सा हुकूमशाही मानसिकतेचे प्रदर्शन करून, तत्कालीन इंदिरा गांधी सरकारान १८ महिन्या खातीर देशात आणीबाणी लादिल्ली. लाखांनी लोकांक त्यांच्या स्वतःच्या चुकीशिवाय कादयेत उडयल्ले आणि माध्यमांचो आवाज दाबिल्लो. दमनकारी सरकारच्या अकल्पनीय छळाक तोंड दिवनुय लोकशाही पुनरुज्जीवित करपाक संघर्ष करपी लाखांनी लोकांच्या आत्म्याचो सन्मान करपाक संविधान दिसाचो हेतू आसा हे विशी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणले की byte pm**

**रश्मि 120**

**गोंयात हरीतपुर्वक उर्जा निर्मिती करची म्हण गोंय सरकारान सौरउर्जेक उर्बा दीवपाक महत्व दीला. घरांचेर सोलर पॅनल बसोवपा खातीर सरकार 50 % सवलत दीता.जाल्यार ह्या येवजणेचो लाव घेंवन आजुन मेरेन राज्यात 31.73 टक्के उर्जा निर्मिती केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री कार्यालयातल्यान मेळ्ळया. 2025-206 मेरेन गोंयात 900 सौर उर्जेचो उपेग करपी पंप बसोवपाची मोख सरकारान दवरला. गोंयात ग्रीन revolution घडोवन हाडपाखातीर सौरउर्जा महत्वाची उर्जेचो स्तोत थारपाक**

शकता. फकत तंत्रगिन्याना वरवीं न्हय तर फुडल्या पिळगे खातीर स्वच्छ वारो, राज्यातल्या शेतकारांक बरी साधनां, आनी सगळ्यां खातीर पर्यावरण पुरक फुडार दिवपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. biogas, solar heating, गांवगीऱ्या वाठारात सौरउर्जेतल्यान वीज निर्मीती करपाच्या हेतान सरकार सवलत दीवपी येवजण्यो राबयता.गोंयकारांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवन पर्यावरणपुरक स्तोत्राचो उपेग करपाक प्राधान्य दीवचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

रश्मि 90

नामनेचे गायक अजित कडकडे हांका मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी कला आनी संस्कृती खात्याचो मानाचो गोमंन्त विभुशण पुरस्कार भेटयलो. गोंयच्या तरणाट्यांनी अजीत कडकडे हांच्या गायन कलेच्या खडतर प्रवासाची,तांच्या जीद्दीची, ,कलेच्या सेवेची नोंद घेंवची अशे म्हणून मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तांची तोखणाय केली byte

अजीत कडकडे हांणी गोंयच्या नव्या गायकाची पीलगी घडोवची अशे ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी अजीत कडकडे हांचेकडे मागले byte

ह्या वेळार आपले मनोगत उक्तायताना अजीत कडकडे हांणी हो पुरस्कार आपले गुरू पंडीत जीतेंद्र अभिशेकी हांका,तशेंच संगीत शिकयील्ल्या प्रत्येक गूरूंक आनी संगीत रसीकांक सर्मपीत केला अशे म्हणले byte

ीरज 50

एथलेटिक्सांत दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी नीरज चोपडान चेक रिपब्लीकांत जाल्या ओस्ट्रावा गोल्डन स्पायक 2025 सर्तीत भालाफेक सरत जिखला. एका दिसाच्या सर्तींत काल रातीं 27 वर्सां पिरायेच्या ह्या भारतीय खेळगड्यान 85.29 मीटरच्या सर्वोत्तम भालाफेक करून भांगरा पदक जिखले.

**हवामान 30**

**भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां सावन वायव्य भारतांतल्या काय सुवातींनी व्हड ते सामको दडकांनी पावस आनी वाडपी पावसाचो अदमास काडला. हेर राज्या सयत कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्रत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे imd कळीत केला**